# सेंट फ्रान्सीस झेवियर पवित्र कुड दर्शन सुवाळ्याच्या तयारीचो नियाळ

ता. 12 नोव्हेंबर 2024

महसूल सचीव आनी पवित्र कुड दर्शन सुवाळ्याचे आयुक्त-1 श्री. संदीप जॅकीस हांणी आयज सेंट फ्रान्सीस झेवियर पवित्र कुड दर्शन सुवाळ्याच्या तयारीचो नियाळ घेवन विंगड विंगड सुविधांची स्वता पळोवणी केली.

सेंट फ्रान्सीस झेवियर पवित्र कुड दर्शन सुवाळ्या खातीर पोरण्या गोंयांत येवपी भाविकांक सोयीचे जावचे म्हूण आवश्यक सुविधां निर्माण केल्ल्यो आसून सुविधांचो दर्जो राखून दिल्ल्या वेळेत त्यो पुर्ण केल्ले खातीर जॅकीस हांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांची तोखणाय केली.

सुवाळ्याच्या दिसांनी सगल्या सुविधांच्या थळार नितळसाण राखपाक प्राधान्य दिवचे, अशें संबंदीत अधिकाऱ्यांक सांगलें. जॅकीस हांणी निवास, हाऊसकिपींग, पार्किंग, बासिलिका आनी सी कॅथेड्रल प्रकल्प, एक्सपोजिशन कार्यालयातल्या सुविधांची पळोवणी केली.

पोरणे गोंय पंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती मेधा पर्वतकर, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, रेव्ह. फा. हेत्री फाल्काव, पेट्रिसीयो फर्नांडिस, भौशीक बांदकाम खात्याचे मुख्य अभियंता नितीन नेवरेकर, कार्यकारी अभियंते ज्युड कार्व्हालो, आयटी खात्याचे संचालक प्रविण वळवटकर आनी हेर सरकारी अधिकारी बसकेक हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/632

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.